Panaji regional 26.06.2026 at 7.25 am

Rajesh

deशाचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या पुढारपणाखाला फाटल्या बारा वर्षात भारत देशान लक्षणीय उदर्गत केल्या. केंद्र सरकार आणि राज्य सरकार यांच्या डबल इंजिन सरकारच्या माध्यमातलयान गोंय सरकारान विंगड विंगड उदर्गतीची कामा पुराय केल्यात अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. साखळे रविंद्र भवनान काल जाल्या स्वयंपूर्ण गोंय अंतर्गत जनकल्याण शिबिराच्या उकतावण सुवाळ्यात मुखेलमंत्री उलयताले. विकसित गोवा 2037 चे सपन पुराय करपाखातीर गोयकरांनी विशेष करून तरणाट्यांनी सहकार्य करपाची गरज आसा अशें ताणीं मुखार सांगले.

Cm

Dip - 'प्रधानमंत्री मत्स्य संपादन येवजणे' - 85

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय नुस्तेमारी मंत्री राजीव रंजन सिंग, नुस्तेमारी मंत्री नीलकांत हळर्णकार, आनी कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर हांच्या हाजिरेंत 'प्रधानमंत्री मत्स्य संपादन येवजणे' खाला 'कोला/सालेरी' हांगा एकत्रीत आधुनिक दर्यादेगेवेल्या नुस्तेमारी गांव प्रकल्पाचो बुन्याद घालतले. ही कार्यावळ आज सकाळीं 11:00 वरांचेर श्री विठ्ठल राखुमाई देवस्थान, सालेरी, कोला हांगा जातली

Sushant /निखील - किरेन रिजिजू

केंद्रीय अल्पसंख्याक व्यवहार आनी संसदीय व्यवहार मंत्री किरण रिजिजू हांणी आज गोंयांत अल्पसंख्याक कल्याण योजनांविशीं चड जागरूकताय करपाची आनी ताचो लाभ घेवपाची गरज उक्तायली. दक्षिण गोंयांतल्या केळशी हांगा गोंय राज्य अल्पसंख्याक वित्त आनी उदरगत महामंडळ वतीन आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीत नॅशनल मायनॉरिटीज डेव्हलपमेंट अँड फायनान्स कॉर्पोरेशनच्या लाभार्थ्यां वांगडा तांणी सुसंवाद सादलो. गोंयांतल्या अल्पसंख्याक कल्याण योजनांचो आढावो घेवपा खातीर आनी लाभार्थ्या कडlyan थेट अभिप्राय मेळोवपा खातीरआज हो लाभार्थी सुसंवाद

आयोजीत केल्लो. यावेळार उलयताना रिजिजू हांणी सांगलें की, ग्राउंड रीॲलिटी आनी लाभार्थ्यांच्या अडचणी समजून घेवपा खातीर तांणी जाणीवपूर्वक ल्हान आनी संवादात्मक सत्राची निवड केल्या. गोंय हें ल्हान राज्य आसून थंय लाभार्थी कमी आसले, तरी कल्याणकारी योजनांची प्रभावी अंमलबजावणी जाल्यार ताचो परिणाम व्हड जावंक शकता, अशें तांणी सांगलें.
अल्पसंख्याक कल्याण आनी पायाभूत सुविधा विकासा खातीर मंत्रालयाची फ्लॅगशिप येवजण 'प्रधान मंत्री जन विकास कार्यक्रम' ची गोंयांत चड अंमलबजावणी आनी जागरूकताय निर्माण करपा खातीर राज्य सरकारा वांगडा चर्चा करतले, अशें रिजिजू हांणी सांगलें.

Rabies ganesh

गोंय हें रेबीज मुक्त राज्य सेगीत दवरपा खातीर शिमे वेल्या म्हालांतल्या सुण्यांचें लसीकरण जातलें. हाचे खातीर मार्च 2029 मेरेन लसीकरण करपी येवजण तयार केल्या. गोवा फावंडेशनाच्या गोरवां चिकित्सा फांट्या वरवीं ही मोहीम सुरू उरतली. तीन वर्सां खातीर 2 कोटी शानणव लाख रुपयांची अर्थीक मजत दिवपाची तजवीज आसा. हे विशीची अधिसूचोवणी जारी जाल्या. मालकीच्या आनी रस्ताद सुण्यांक लस दिवन वा लस दिवपाची खात्री करप. शिमे वेले गोंयचे म्हाल आनी महाराष्ट्र , कर्नाटकाचे शिमेंतल्या म्हालांतल्या सुण्यांक लस दिवपाची तजवीज आसा. मिशन रेबीज मोहीम ट्रस्ट वर्ल्डवाइड वरवीं वर्ल्डवाइड पशूवैजकी सेवा प्रकल्प पशूवैजकी सेवा गोवा फावंडेशना वतीन चालू उरतली.

Poll ganesh

हॉटेल्स, हॉस्पिटलां, घर निर्माण सोसायटी वा हेर आस्थापना जी दिसाक 100 किलावेर कोयर तयार करतात तांणी केंद्रीय प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या पोर्टलाचेर नोंदणी करप सक्तीचे आसा. नोंदणी केली ना जाल्यार उदकाची वा विजेची जोडणी तोडपाची

कारवाय जातली. हे विशीची नोटीस प्रदुशण नियंत्रण मंडळान जारी केल्या. 1 एप्रीलाक लागू जाल्ल्या घन कोयर वेवस्थापन नेम, 2026 प्रमाण हे निर्देश दिल्यात.

राजेश - कीर्तन महोत्सव - 85
शिवराज्याभिषेक दिनानिमित्तान साखळी रविंद्र भवनान आज 26 जून 2026 ते 28 जून या मजगती तीन दिसांच्या कीर्तन महोत्सवाचें आयोजन केला. नामनेचे कीर्तनकार ह .भ. प चारुदत्त आफळेबुवा हांचे कीर्तन दर दिसा सांजवेळार 7 ते 10 वरां मजगतीं रवींद्र भवनात जातलें. मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत महोत्सवाचे उक्तावण करतले.

Sushant south

दक्षिण गोंयांत उदका पुरवण करपी शेळपे सांगे हांगाच्या 100 एमएलडी ताक आशिल्ल्या साळावली उदक शुध्दीकरण प्रकल्पाचें काम 29 जून दिसा हातात घेवपाचें आशिल्ल्यान दक्षिण गोंयच्या कांय वाठारांनी 30 जून दिसा उदका पुरवण मर्यादीत आसतली अशें भौशीक बांदकाम खात्यान कळीत केलां.

imd
भारतीय हवामान विभागान दयादेग कर्नाटक, झारखंड, कोकण आणि गोय महाराष्ट्र, तेलंगणा, ओडिशा, उप-हिमालयीन पश्चिम बंगाल आणि सिक्कीमच्या काय वाठारांनी घोग्यानी पावस पडपाचो अंदाज दिला.